2024 IV 04 0930 Seat No. | | | | | |

Time : 3 Hours **KONKANI (T.L.)**

**Subject Code**

| S | 1 | 1 | 3 | 2 |
|---|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 75 (Printed Pages : 10) Maximum Marks : 80**

**सुचवण्यो :** (*i*) प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*ii*) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.

**सकयल दिल्लो उतारो पाठाचेर आधारीत आसा. उतारो वाचून दिल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.**

दोतोर फ्रांसीश्कू लुईश गॉमिश विविध तासांचो म्हान गोंयकार. वैज, राजकारणी, पत्रकार, भाशाशास्त्री आदी. पुर्तुगेज, फ्रांसेज, इंग्लेज, इटालियान, लार्ती, कोंकणी आनी मराठी भासो तो खोलायेन जाणा आसलो. ताणें पुर्तुगेजींत आनी फ्रांसेजींत आठ पुस्तकां बरयल्यांत. हातूंतलीं दोन उजवाडा येवंक नात. ताची पोर्तुगेजींत बरयल्ली 'उश ब्रामनिश' (बामण) कादंबरी वयल्या पावंड्याची आसून हेर भासांनी तिचीं भाशांतरां जाल्यांत. ताची बरोवपाची शैली सुंदर.

1. दो. फ्रांसीश्कू लुईश गॉमिश हांका खंयच्यो खंयच्यो भासो येताल्यो ? 1

2. दो. फ्रांसीश्कू लुईश गॉमिशाच्या खंयच्यां कादंबरीची हेर भासांनी भाशांतरां जाल्यांत ? 1

3. दो. गॉमिशान खंयच्या खंयच्या भाशांनी आठ पुस्तकां बरयल्यात ? 1

4. दो. गॉमिशाची कितलीं पुस्तकां उजवाडा येवंक नात ? 1

**सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधानामुखार जोडून वाक्य पुराय करून बरयात.**

5. पयले अवकाश भोंवडेवेळार कल्पनान अवकाशांत केल्लें काम पळोवन ............................ 1

- भारतीय पत्रकार भारावले.
- 'नासा'चे अधिकारी भारावले.
- भारतीय अधिकारी भारावले.
- अवकाश यात्री भारावले.

6. बाबुमाम हीच नव्या सोमाराची संद पळोवन ............................ 1

- देवाक गोडाच्या धेपिंचो निवेद दाखयतालो.
- पालखेचो उत्सव मनयतालो.
- देवाक पयल्या पणसुलाचो निवेद दाखयतालो.
- लोकांक पनवार-पंचखाज वाट्टालो.

7. पुनवेचे राती मळब नकेत्रांनी फुलचें तशें ............................ 1

- सायमनाचे तोंड परजळटालें.
- सायमनाचो लोब परजळटालो.
- सायमनाचे घर परजळटालें.
- सायमनाचो गांव परजळटालो.

**सकयल पाठांतली विधानां दिल्ल्यात. तांच्या सकयल पाठांच्या बरोवप्यांची नावां दिल्यात. तीं वळखून बरयात.**

8. म्हजें एकलेंय भुरगें रोगयाळें न्हय. 1

- हेमा नायक
- शणै गोंयबाब
- मधुसूदन बोरकार
- एन. शिवदास

9. गोंयांत दर्याची व्हड देग आशिल्ल्यान वादळाची शक्यताय चड. 1

- अजित पैंगिणकार
- दता दामोदर नायक
- डॉ. नारायण भास्कर देसाय
- फा. फ्रेडी जे. द. कॉश्ता

**सकयल दिल्लीं खंयचीय तीन विधानां कोणें कोणाक म्हणल्यांत तें बरयात.** 3

10. ''सायबा म्हज्या! वाट चुकलो तूं!''

11. ''भायरी घे सालामार्काची.''

12. ''आयज म्हज्या गावांत म्हजें पयलें मीस आसा इगर्जेंत.''

13. ''हांव कर्नाल हरीयाणाचे.''

14. ''अशी सैमीक अरिश्टां जायते खेपे घडटात.''

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8-10 उतरांनी बरयात.** 4

15. सोनिया कितें घेवन रुळांवेल्यान धावत सुटलें ?

16. सायमन इश्ट जॉनी वांगडा खंय वचपाक भायर सरलो ?

17. जाणटेल्याक दिसाउजवाडे घरा कित्याक पावूंक जाय आसलें ?

18. मनशान आपलें सपन पुराय करपाक कितें करूंक जाय ?

19. बरोवपी रातचो हांतुणार पडटां तेन्ना ताका कसले विचार धोसूंक लागतात ?

20. केशवान सपनांत कितें पळयलें ?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40-45 उतरांनी बरयात.** 8

21. आदले लोक भलायकेन घटमूट कित्याक आसताले अशें बरोवपी म्हणटा ?

22. हॉलंडाच्या लोकांक भव्य दिव्य गजालीपरस ल्हान सानशो माणकुल्यो वस्ती आवडटात अशें बरोवपी कित्याक म्हणटा ?

23. शिगम्यात 'आरत' म्हणल्यार कितें ?

24. गोंयची माती कलेक पोसवण दिता ती कशी ?

**सकयल 'ब' गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यांत आनी 'भ' गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्यांत. त्या कडव्यामुखार योग्य अर्थ बरोवन वाक्यां जुळयात.** 2

| **'ब'** | **'भ'** |
|---|---|
| 25. तुजें जिणें आसा गितां हालते खांदयें खांदयेंत | * आवय खातीर भुरग्यान खूप दुख्ख भोगलां. |
| | * वडाचे हालत्या खादयांनी ताचे जिणेंचे आनी पिळग्यांचे अणभव आसात. |
| 26. तुजें पासत भगल्यांत तिणें जायतीं भगणं | * आवयन भुरग्या खातीर खूप त्रास काडल्यांत. |
| | * वड खांदयो हालयत तुजें जिणेंत गितां बरयता. |

**सकयल दिल्ल्या कवितेच्या वळींतल्यो रित्यो सुवाती ताच्या सकयल दिल्ल्या फावो त्या उतरांनी भरून वळी परत बरयात.**

27. ह्याच वेळार .................. भिरें घोंटेरांत काड्यो वेंचता. 1

- कावळ्यां
- सुकणयां
- पारव्यां
- पोपटां

28. तरी आयज ....................... उबो पांय रोवून मातयेंत. 1

- झेतान
- खोशयेन
- दुख्खान
- नेटान

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8-10 उतरांनी बरयात.** 2

29. मांयचो शिराप भुरग्यान कित्याक घेंवचो न्हय ?

30. मोगरेक कळो केन्ना फुलता ?

31. भारतीयांचेर कसली मोडां आयली अशें कवी म्हणटा ?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 20-25 उतरांनी बरयात.** 6

32. 'मागणें' हे कवितेंतल्यान कवी कितें सांगूक सोदता ?

33. फांत्या पारार कवी संवसार कशेतरेन जागोवंक सोदता ?

34. 'कुच्छित्रांचे दोमळे विंचू घास मारतले' हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात.

35. तारयाक दर्याचो थाव केन्ना सोदचो पडटा ?

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मरिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात.**

(जीव पावणेर काडप, हात दाखोवप, आंगांक कांपरो भरप, उजरावन काडप)

36. भुरगी मस्ती करतात ते पळोवन आवय तांकां खर उलयली. 1

37. तरणाटे मोटरसायकली चलयतना आपल्या जीवाची पर्वा करिनात. 1

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांची उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात.** 2

38. पिकाळ

39. न्याय

40. मान

41. सुवार्थी

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं विशेशणां करून बरयात.** 2

42. आळस

43. सात्वीकपण

44. दुबाव

45. सर्ग

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं भावनामां करून बरयात.** 2

46. शिटूक

47. जाग्रूत

48. बुदवंत

49. इत्सूक

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय स वाक्यांत कंवसांत दिल्ल्या सुचोवणे प्रमाण बदल करून बरयात.** 6

50. कांय लोकांनी आमची गाडी आडायली.

(आडी मारिल्ल्या उतरांची जात बरयात)

51. केशव पसरो बंद करता.

(भूतकाळात बरयात)

52. आंबे धाडटालो घांटार तो आनी काजी.

(पाठाच्या आधारान उतरांची फाव तशी मांडणी करून वाक्य परत बरयात)

53. पयशांची आस कोणाक ना अशी ना.

(अर्थ बदलीनासतना वाक्य हयकारी करात)

54. जाणटेलो बडी घेवन चलतालो.

(लिंग बदलून वाक्य परत बरयात)

55. कमलान बाजारांत वचपाक पोतयो घेतल्यो.

(वचन बदलून वाक्य परत बरयात)

56. घरांत हुंदीर जाल्यात. बाबान मांजर हाडलां.

(अव्यय वापरून एक विधान करात)

57. संकटावेळार सेजारी पयलीं धांवून यितात.

(वाक्य शुद्ध करून परत बरयात)

**सकयल दिल्लीं खंयचींय दोन अव्ययां वापरून दरेकी एक-एक वाक्य घडोवन बरयात.** 2

58. आरे वा!

59. कडेन

60. नाजाल्यार

61. आतां

62. **''घरांत केल्लें खाण भलायकेक बरें''** ह्या विशयाचेर आवय आनी भुरगो हांचेमदीं जाल्लो संवाद **7-8** वळींनी बरयात. 4

**सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.**

आमकां स्वराज्य तर मेळळें पूण सुराज्य आमचेखातीर एक सपनकशें जांवन आसा. हाचें मुखेल कारण म्हणल्यार देशाक समृद्ध करपाखातीर जाय ते खर श्रम करपाक आमी आजून शिकूंक नात. श्रमाचे मोल आनी म्हत्व आमकां खबरूच ना. आमी आतांमेरेन सुशेगाद रावल्यात. श्रम करपाची आमकां आवड ना. श्रम करप म्हणल्यार कमी दर्जाचें काम अशें आमी मानतात. आमी सदांच चिंततात की कमीत कमी श्रमांत आमकां चडांत चड पैशें मेळचें. कामचुकारपणां करपांत आमी धन्यताय मानतात. हीच इबाडिल्ली मनोवृत्ति राश्ट्राच्या आत्म्यांत घर करून बसल्या. ह्या सगळ्यांतल्यान आमी मुक्त जायनात वा भौसाकडल्यान जितले घेतात वा घेवपाक सोदतात ताचे परस कितलेंशेच पटीन खर श्रम करून परत दिनात जाल्यार देश मुखार वचपाक शकचो ना आनी स्वराज्य सुराज्यांत बदलपाक शकचें ना.

63. आमचेखातीर खंयची गजाल सपनकशें जावन आसा ? 1

64. आमी सदांच कितें चिंततात अशें बरोवपी म्हणटा ? 1

65. खंयची गजाल आमकां खबरूच ना अशें बरोवपी म्हणटा ? 1

66. आमी कितें करपांत धन्यताय मानतात अशें बरोवपी म्हणटा ? 1

67. स्वराज्य सुराज्यांत केन्ना बदलतले अशें बरोवपी म्हणटा ? 1

68. **सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणींत अणकार करात.** 2

Goa is a wonder of nature. It has long beaches that drive tourists crazy.

69. **सकयल दिल्ल्या मुद्यांच्या आदारान योग्य माथाळो आनी देख दीवन काणी बरयात.** 5

एक विद्यार्थी आसप .................... शिक्षकान घरपाठाक एक प्रस्न सोडोवंक दीवप .................... प्रस्नसुटना जावप .................... व्हडल्या भावाकडल्यान सोडोवन घेवप .................... दुसऱ्या दिसा वर्गात ताचीच जाप बरोबर आसप .................... शिक्षकान ताका शाबासकी दीवप .................... तो रडूंक लागप .................... शिक्षकान कारण विचारप .................... खरी गजाल सांगप .................... खरें उलयता म्हूण शिक्षकान ताची तोखणाय करप .................... इनाम दीवप .................... देख.

70. तूं इशा/इकबाल खान, रावता घर नं. 206, सांतीनेज, पणजी–गोंय ह्या नाम्यार. थंयसावन तुज्या भावाक मैदानी खेळाचें म्हत्व सांगपी चीट बरय. 5

**वा**

71. तूं मनिषा/मयूर सांवत, रावता सांवत निवास, पर्वरी–गोंय ह्या नाम्यार. थंयसावन रस्त्यांक फोंडकुलां पडिल्ल्यान अपघाताचे प्रमाण वाडल्यात ताचेर उपाय काडपाक सांगपी चीट भौशीक बांधकाम खात्याच्या अधिकाऱ्याक बरय. 5

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 150 ते 200 उतरांनी निबंद बरयात.** 7

72. म्हज्या सपनांतलो भारत देश.

73. व्यायामाचें म्हत्व.

74. पुस्तक प्रदर्शनांत एक वर.

75. वर्गातल्या फळ्याची आपजीण.